Prabodhan Education Societys's

Vidya Prabodhini College of Commerce, Education, Computer and Management, Parvari, Goa.

**Semester End Examination Oct-Nov, 2019**

Programme: B.A.B.Ed. Subject: Konkani Course

Title: Poetry as a literary form Category: Elective

Semester: III Paper No.: 1 Time: 02 hrs Max. Marks: 70 marks

---

सुचोवण्यो:
1. सगळें प्रस्न सक्तीचें आसात.
2. प्रस्नां सामकार दरेका प्रस्नांचें गूण बरयल्यात.
3. नवी जाप नव्या पानार बरोवची.

---

प्र. 1. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **दोन** प्रस्नांच्यो जापो बरयात. **(2×6=12)**

1. कविता म्हळ्यार कितें हें सांगून कोंकणी कवितेच्या इतिहासाचेर खोलायेन बरयात.
2. कवितेच्या प्रकारांची वळेरी दिवन खंयच्याय तीन प्रकारांचेर खोलायेन बरयात.
3. कवितेच्या खंयच्याय चार घटकांचेर खोलायेन बरयात.

प्र. 2. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **तीन** प्रस्नांच्यो जापो बरयात. **(3×4=12)**

1. 'यो दिसा भर पोटां' हे कवितेंत कवियित्री कसलो विचार मांडटा ?
2. 'चिंगार' हे कवितेंत कवी कसल्या विशयाचेर भाश्य करता ?
3. 'असो म्हाका गांव जाय' हे कवितेंत कवीक कसलो गांव जाय ?
4. 'सरत्या श्रावणांतल्यो कविता' हे कवितेंतल्या सैमाचें वर्णन तुमच्या उतरांनी करात.

प्र. 3. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **तीन** कडव्यांचें संदर्भा सयत स्पश्टीकरण बरयात. **(3×4=12)**

1. सुखाचे सुवाळे अर्ध्यारूच सोपोवन
   तुज्या विरहाचे सुतक हांव मनयत आसा

2. तें झाड काळखाचें
   ताका फुलां काळखाचीं
   ताची फळां काळखाचीं
   ताचे भोंवतणी काळोख काळोख

3. सुर्याची शक्त जोडून
   काळखा संव्हार करचो आसा

4. आमचो दीस जांवचे पयलींच

तांगेलो सुर्य माथ्यार येता
तांगेली रखरखीत जीण

आनीक रखरखीत करपाक

प्र.4. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय **तीन** प्रस्नांच्यो जापो बरयात. (3×4=12)

1. 'काव्यफुलां' ह्या कविता झेल्यांत आशिल्ल्यो सामाजीक कविता देखी सयत स्पश्ट करात.
2. सैमाचें चित्रण करपी कवितांचेर भाश्य करात.
3. कांव्याच्या भावना आनी कल्पना ह्या घटकांचेर आदारून कवितांचेर भासाभास करात.
4. मरणाचें संदर्भ आयिल्ल्या कवितांचेर तुमचें मत मांडात.

प्र.5. अ) सकयल दिल्ल्या कोंकणी उता-याचो **इंग्लिशींत** अणकार करात. (1×6=06)

स्वामी विवेकानंद हें भारताचें एक व्हड संत तशेंच एक नामना जोडिल्ले फुडारी आसले. तांचो जल्म 12 जानेवारी 1863 ह्या दिसा अस्तंत बंगालाक जालो. तांचें खरें नांव नरेंद्रनाथ दत्त मात 10 मे 1893 ह्या दिसा राजा अजितसिंग खेत्री हांणी तांका विवेकानंद हें नांव दिलें. ह्याच नांवान आयज संवसार तांका वळखतात.

ब) सकयल दिल्ल्या इंग्लिश उता-याचो **कोंकणींत** अणकार करात. (1×6=06)

I go out of the house alone. It is so dark! Is someone there? Who is it? It is only the cat. I am not afraid. I can see a big dark thing outside. It is the well. My sister is drawing water from the well. I hear footsteps. She is my mother. She has come home from the fields. I am a big girl now. I am not afraid of anything.

प्र.6. अ) शुध्दलेखनाच्या नेमांप्रमाण उतारो शुध्द करून बरयात. (1×5=05)

कोकणि मनशाच्या जिवितात काव्याचि सूवात आगळिच. आल्लयो, गित, काणयो, माडे, दुलपदां, फूगड्यो, हातुंत लोककाव्याचो परमल फाकील्लो आसा.

ब) सकयल दिल्ली उतरां शुध्दलेखनाच्या नेमांप्रमाण शुध्द करून बरयात. (5×1=05)

1. दालो 2. दूस्वासि 3. कारयावर्ले 4. दीवलि 5. पूस्तख